# <u>हर घर तिरंगा मोहीम</u>

ता. 8 ऑगस्ट 2024

गोंय सरकार राज्यांत 9 ऑगस्ट 2024 सावन "हर घर तिरंगा" मोहिम आयोजीत करतले. 9 ते 13 ऑगस्ट 2024 मेरेन राज्यांत तिरंगा यात्रा/रॅली, तिरंगा कंन्सर्ट, तिरंगा मेळावे, तिरंगा रन आनी मॅराथॉनचे आयोजन करपात येतले. तिरंगा सोपूत, तिरंगा सेल्फी आनी तिरंगा कॅनवास कार्यक्रम लेगीत ह्या मोहिमेचो भाग आसतलो.

प्रत्येक तालुक्यात तिरंगा यात्रा/रॅलीचे आयोजन करतले. देशभक्ती गीतांचो तिरंगा कंन्सर्ट आयोजीत करतले. स्वातंत्र्य सैनिक आनी तांच्या कुटुंबाचो भोवमान करतले. तिरंगा मेळाव्यांनी थळाव्या कारागिरांनी तयार केल्ल्यो हस्तकला वस्तूं आनी राष्ट्रीय तिरंगो प्रदर्शीत करतले. तिरंगा कॅनवास कार्यक्रमात लोकांक खंयच्याय भारतीय भाशेंत "हर घर तिरंगा" वा "जय हिंद" बरोवपाक मेळटले.

आझादी का अमृत महोत्सवा निमतान "हर घर तिरंगा" मोहिमेक सुरवात जाल्ली. राष्ट्रीय तिरंगो बावटो आपल्या घरात हाडून तो हुबोवपाक लोकांक ह्या मोहिमे वरवीं प्रेरणा मेळटा, जेणे करून लोकांच्या काळजात देशभक्तीची भावना जागी जाता आनी राष्ट्रीय बावट्या विशीं आदर निर्माण जाता.

फाटल्या दोन वर्सांत "हर घर तिरंगा" ही लोकांची मोहिम जाल्ली आसा. "हर घर तिरंगा" मोहिमेक लोकांचो भरपूर प्रतिसाद मेळटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/379

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.